पणजी राष्ट्रीय खबरो 09.07.2026 @ 8.40 am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आपले  ऑस्ट्रेलियन समपदस्थ  अँथनी आल्बानीस हांचे कडेन आयज मेलबर्नांत उलोवणी करतले

भारत आनी म्यानमार हांणी द्विपक्षीय सुरक्षा सहकार्याचेर चर्चा केली आनी द्विपक्षीय संवाद यंत्रणे खाला जाल्ले प्रगतीचो नियाळ घेतलो

वर्गांत चड सृजनशील, परस्पर संवादात्मक आनी डिजिटल तंत्रज्ञानान सज्ज करपा खातीर गोंयान 'एडोब एक्सप्रेस फॉर एज्युकेशन' उपक्रम सुरू केला.

ज्युनियर्स 2026 वर्साच्या  चल्यांच्या एकोडी  सर्तीत उपांत्यपूर्व फेरी गाठून भारताच्या अर्णव पापार्करान इतिहास निर्माण केलो

मोदी

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आपले  ऑस्ट्रेलियन समपदस्थ  अँथनी आल्बानीस हांचे कडेन आयज मेलबर्नांत उलोवणी करतले. दोनुय फुडाऱ्यां मदीं जावपी उलोवपांत वेपार, संरक्षण, गंभीर तंत्रगिन्यान, शिक्षण आनी लोकां मदलो परस्पर संबंध ह्या मळार खोलायेन सहकार्य करपाचेर भर दिवपाची शक्यताय आसा. हे भेटींतल्यान भारत-ऑस्ट्रेलिया 'सर्वसमावेशक धोरणात्मक भागीदारीक ' नवी चालना मेळटली असो अदमास आसा. प्रधानमंत्री मोदि 'इंडिया-ऑस्ट्रेलिया सीईओ फोरम' हातूंत वांटो घेतले आनी दोनूय देशांतल्या मुखेल उद्देग फुडाऱ्यांकडेय  उलोवणी करतले. तशेंच मेलबर्नांत जावपी समाजीक कार्यावळींत तो भारतीय समाजा कडेन संवाद सादतलो. ऑस्ट्रेलियन प्रधानमंत्र्याच्या आमंत्रणा प्रमाण तीन दिसांच्या ऑस्ट्रेलियेक भोंवडेर आशिल्ले मोदी काल सांजवेळा मेलबर्नाक पावले. तीन राश्ट्रांच्या भोंवडेच्या दुसऱ्या पावडयार प्रधानमंत्री मोदी इंडोनेशियांतल्यान मेलबर्नाक पावले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी इंडोनेशियाचे राष्ट्राध्यक्ष प्रबोवो सुबियांतो हांचे वांगडा युनेस्कोच्या संवसारीक दायजाच्या योग्याकार्टोच्या प्रंबनन देवळाक भेट दिली. देवळ संकुलाचे संवर्धन आनी जीर्णोध्दार करपा खातीर भारतान दिल्ल्या आदाराचे तांणी उपकार मानले प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी सुमार बारा शेंकड्यांच्या काळांत हें भव्य दायज सांबाळपा खातीर इंडोनेशियाच्या लोकांचे उपकार मानताना ताणी म्हणला

म्यानमार

भारत आनी म्यानमार हांणी द्विपक्षीय सुरक्षा सहकार्याचेर चर्चा केली आनी द्विपक्षीय संवाद यंत्रणे खाला जाल्ले प्रगतीचो नियाळ घेतलो. भारत आनी म्यानमार हांचे मदीं जाल्ली दोन दिसांची 23वी राष्ट्रीय पांवड्यावेली बसका काल नवी दिल्लींत सोंपली. आतंकवाद, बंडखोरी, अमली पदार्थांची तस्करी, शस्त्रांचो तस्करी, मनीस तस्करी,रानवटी जनावरांची तस्करी, सायबर गुन्यांव आनी हेर प्रकारच्या संघटीत गुन्यांवां सयत आंतरराष्ट्रीय गुन्यांवांक आडावपा खातीर दोनूय वटांनी सहकार्याचेर चर्चा केल्या अशें गृह मंत्रालयान सांगलें. तशेंच गुप्त माहितीची देवाणघेवाण आनी अंमलबजावणी समन्वय वाडोवपाक, तशेंच सामायिक सुरक्षा आव्हानांक प्रभावीपणान तोंड दिवपा खातीर क्षमता निर्माण करपाचे उपक्रम हातांत घेवपाक मान्यताय दिल्या .

शिवराज

शेतकारांचें हितसंबंद राखपा खातीर केंद्र सरकारान तमिळनाडूंतल्या शेतकारांकडल्यान खोपरा आनी तोतापुरी आंबे विकतें घेवपाक मान्यताय दिल्या. हाका लागून उत्पादकांक बरे दर मेळटले आनी बाजारांतल्या उतार-चढावाक लागून सक्तीच्या विक्रीपासून तांकां राखण मेळटली अशें शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्रालयान सांगलां. तमिळनाडून सादर केल्ल्या प्रस्तावाचेर ही मान्यताय मेळ्ळ्या. हे मान्यताये खाला राज्यांत 87 हजार मेट्रीक टन वयर खोपरा विकतें घेतले. पुराय खरेदी 'किमान आदार येवजणे खाला (एमएसपी) प्रमाण जातली.

शिवराज

केंद्रीय कृषी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान हाणी अल निनोच्या संभाव्य परिणामाचेर उचेल्या पावंडा वेली  नियाळ बस्का घेतली. केंद्र सरकारान ह्या वर्सा एप्रीलांत अल निनोचें आव्हान सोंपोवपाची तयारी सुरू केल्ली. अल निनो मॉनिटरिंग सेल, क्रॉप वेदर वॉच ग्रुप, राज्य नियंत्रण कक्ष आनी नोडल अधिकाऱ्यां वरवीं पेरणी, पीक आनी बाजार परिस्थितीचेर नेमान नदर दवरतात अशें बसके उपरांत नवी दिल्लींत पत्रकारांकडेन उलयतना शिवराज सिंह चौहान हाणी सांगलें. ताणी शेतकारांक मकें, बाजरी, मूग ह्या सारक्या अल्पकाळाच्या पिकांक प्राधान्य दिवपाचो सल्लो दिला.byte

नायडू 60

तंबाखू शेतकारांचें हितसंबंद राखपा खातीर आनी तांचो आत्मविस्वास परतून मेळोवपा खातीर तंबाखू कंपनींक बेगोबेग 'किमान आदार दरान खरेदी प्रक्रिया सुरू करपाचो निर्देश आंध्र प्रदेशाचे मुखेल मंत्री एन चंद्राबाबू नायडू हाणी  दिला. अमरावतीच्या सचिवालयांतल्या अधिकाऱ्यां आनी वेपाऱ्यां कडेन तंबाखू खरेदी प्रक्रियेचो नियाळ घेतना मुख्यमंत्र्यान तंबाखूचें मोल दर किलोक 200 रुपया सकयल दैंवचें न्हय अशें सांगलें; तशेंच कंपनींक लिलावाची प्रक्रिया जलद गतीने राबवपाक सांगलें.

उत्तर प्रदेश

उत्तर प्रदेश सरकारान राज्यांतल्या शिक्षक आनी बिगर शिक्षक कर्मचाऱ्यां खातीर 'कॅशलेस' भलायकी येवजण सुरू केल्या. मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ  हाणी  वाराणसी सावन 'मुख्यमंत्री शिक्षक नगदी वैजकी येवजण' सुरू केली; हे येवजणे खाला 15 लाखां परस चड शिक्षकांक 5 लाख रुपया मेरेन वैजकी संरक्षण  मेळटलें. हे येवजणे वरवीं राज्यांतल्या शिक्षकांक आनी तांच्या कुटुंबांक पांच लाख रुपया मेरेन कॅशलेस  वैजकी सुविधाचो  लाव मेळटलो

एनटीए

राष्ट्रीय चांचणी एजन्सी एनटीए न, CSIR UGC NET जून 2026 खातीर परिक्षा शारा विशीं आदींच म्हायती दिवपी 'सिटी इन्टिमेशन स्लिप' जाहीर केल्या.ह्या

म्हयन्याच्या 17 आनी 18 तारखेक ही परिक्षा जातली. उमेदवारांक आपलें नेमून दिले परिक्षा शार कळपा खातीर www.csirnet.nta.nic.in ह्या अधिकृत संकेतथळा वयल्यान आपली स्लिप डावनलोड करपाची सूचना दिल्या.

**रेल**

खाजगी डेकोरेटरक अनधिकृतपणन पयल्या एसी विभागांत प्रवेश दिल्या खातीर साउथ सेंट्रल रेल्वेन एका तिकीट तपासनीसाक निलंबित केला. रेल्वेच्या म्हणण्या प्रमाण नंदीग्राम एक्सप्रेसांत प्रवास करपी एका जोडप्यान आपलो पयलो एसी विभाग सजोवपा खातीर ऑनलायन खाजगी डेकोरेटरची सेवा घेतिल्लो. ताणे विभागांत केल्लो प्रवेश अनधिकृत आशिल्लो आनी ही घडणूक सुरक्षेतली गंभीर त्रुटी म्हण हे विशीं सविस्तर विभागीय चवकशी करपाचो आदेश दिला आनी चवकशेच्या निरिक्षणाचेर आदारून योग्य कारवाय करतले अशें रेल्वेनय स्पश्ट केलां.

ब्रिक्स

ब्रिक्स बायल मंत्र्यांची बसका आयज कोचींत सोंपता.हे बसकेंत वेगवेगळ्या देशांतल्या मंत्र्यांनी काल थारावाच्या मसुद्याचेर चर्चा केली. भारताच्या ब्रिक्स अध्यक्षपदा खाला पंचायती राज मंत्रालयान 2026 वर्सा कोच्चींत ही बसका घडोवन हाडल्या.बायला सशक्तीकरण आनी बायलांच्या फुडारपणा खाला उदरगती संबंदीत मुखेल प्रस्नांचेर चर्चा करपा खातीर बसके आदीं कोच्चींत ब्रिक्स बायलांचो कार्यपंगड बसका घेता. मंत्री बसकेचो संयुक्त थाराव आयज सांजवेळा स्वीकारपाची शक्यताय आसा.

गोवा

वर्गांत चड सृजनशील, परस्पर संवादात्मक आनी डिजिटल तंत्रज्ञानान सज्ज करपा खातीर गोंयान ‘एडोब एक्सप्रेस फॉर एज्युकेशन’ उपक्रम सुरू केला. ह्या कार्यावळी खाला राज्यांतल्या सरकारी आनी अनुदानित शाळांनी शिक्षक आनी विद्यार्थ्यांक डिजिटल शिक्षण साधनांचो फुकट वापर करण्याची सुविधा मेळटली. "डिजिटल कुशळटाय आधुनीक शिक्षणाचो एक अविभाज्य भाग जावपाक लागला आनी 'एडोब एक्सप्रेस फॉर एज्युकेशन' उपक्रमाचो हेत गोंयांतल्या शाळांनी ही कुशळटाय रुजोवपाचो

आसा. "एडोब इंडिया' च्या सहकार्यान सुरू केल्ल्या ह्या कार्यावळीक राज्यांतल्या सरकारी आनी सरकारी-अनुदानित चलपी शाळांनी सवि ते बारावीच्या वर्गांतल्या विद्यार्थ्यांक फायदो जातलो. हो उपक्रम 'राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाच्या उद्दिश्टां प्रमाण आसा."

गडकरी

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलें कि दिल्ली-मुंबय एक्सप्रेस मार्गाचे सुमार 80 टक्के काम पुराय जालां आनी उरिल्लें काम नेटान सुरू आसा. फुडल्या दोन वर्सांत प्रवाशांक दिल्ली सावन नरीमान पॉयंट आनी मुंबयच्या जवाहरलाल नेहरू बंदरा मेरेन फकत 12 वरां भितर प्रवास करपाक मेळटलो अशें तांणी फुडें सांगलें. बुंडीतल्या लाबन इंटरचेंजा थावन कोटा मेरेनच्या ९० किलोमीटरच्या द्रुतगती मार्गाची पळोवणी वेळार केंद्रीय मंत्री गडकरी हांचे वांगडा लोकसभेचे अध्यक्ष ओम बिर्ला आनी राजस्थानाचे मुख्यमंत्री भजनलाल शर्मा आशील्ले .

विंबलडन

विंबलडन

ज्युनियर्स 2026 वर्साच्या  चल्यांच्या एकोडी  सर्तींत उपांत्यपूर्व फरेर्येत पावपी 36 वर्सांतली हि कामगिरी करून  पयलो भारतीय खेळगडो थारपि भारताच्या अर्णव पापार्करान इतिहास निर्माण केलो.18 वर्सां पिरायेच्या पापार्करान उपांत्य फेरयेंत फक्त 52 मिनटांनी जपानाच्या यों ताबाताक 6-2, 6-1 अशी हार घाली.

ग्रॅण्डमास्टर

भारतान शंबरव्या ग्रॅण्डमास्टरांकडे वचपाची  वाटचाल  काल अधिक वेगवान झाली. कन्याकुमारीचो 17 वर्सां पिरायेचो अश्वथ एस हाणें 'पुणे आंतरराष्ट्रीय ग्रॅण्डमास्टर राउंड रॉबिन' सर्तींत निमाणो जीएम नॉर्म पुराय करून देशांतलो 98वो ग्रॅण्डमास्टर जावपाचो मान मेळयलो.

फायनलींत जैताची गरज आशिल्ल्यान अश्वथन खेळटा आसतना अमेरिकेच्या एफएम कन्नन वैद्यनाथनाक हारयलो आनी ग्रॅण्डमास्टर खिताबा खातीरच्यो  सगळ्यो अटी पुराय केल्यो. ताणें ९ फेरयांनी ७ गूण मेळोवन सर्त सोंपयली; स जैत, दोन बरोबरी आनी एक हार अशी नोंद करीत ताणे  दुसरो क्रमांक मेळयलो.

क्रिकेट

दादल्यांच्या क्रिकेटांत पांच मॅचींच्या मालिकेतलो चवथो टी-20 खेळ आय आयज रातीं ब्रिस्टलांतल्या 'काउंटी ग्राउंड' हांगा भारत आनी इंग्लंड हांचे मदीं 10 क सुरू जातलो.

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान आयज अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, बिहार, राजस्थान पावस पडपाचो, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र  अदमास  दिला